**Panaji Regional**

3rd February 2025 7.25am

## CM

दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे भाजपाचो नेटान प्रचार करतात. कोंकणी तशेंच मराठी भाशीक लोकां कडेन संवाद सादपा सयत तांणी भाजप उमेदवारांच्या रेलींतूय वांटो घेतलो. दिल्लींत करोलबाग, राजेंद्रनगर वाठारांत मराठी तशेंच कोंकणी उलोवपी लोक आसात. ह्या वाठारात डॉ. सावंत हांणी भर दिला. आयतारा करोल बाग हांगा मराठा मित्र मंडळ आयोजीत मकर संक्राती कार्यावळीक तांणी हाजेरी लायली. ह्या वेळार आदले मंत्री डॉ. भागवत कराड तांचे सयत हाजीर आशिल्ले. मराठी भाशिकां कडेन तांणी संवाद सादलो. आयतारा राती राजेंद्र नगर हांगच्या सरस्वती संस्कृती भवनात तांणी कोंकणी भाशिकां कडेन संवाद सादलो. हाचे पयलीं मोतीनगर मतदारसंघांत हरिश खुराणा हांचे प्रचारसभेक मुख्यमंत्र्यांनी संबोदीत केलें. दिल्लीची उदरगत तशेंच विकसीत दिल्ली खातीर भाजपाक मतदान करो उलो डॉ. सावंत हांणी मारलो.

## वास्को

वास्कोच्या संडे बाजारांतल्या तीन दुकानांक उजो लागून धा ते बारा लाख रुपयांचें लुकसाण जाले. वास्कोचे आमदार कृष्णा साळकार हांणी घडणुक सुवातेक भेट दिवन पळोवणी केली. संबंदीतांक मुख्यमंत्री निधींतल्यान अर्थीक मजत मेळटली अशें आश्वासन तांणी दिलें. मजगतीं, शार्ट सर्किटाक लागून हो उजो लागला आसूं येता असो अदमास आसा. संडे बाजारांतल्या कांय दुकानांतल्यान रातीं धुंवर येता तें पळोवन कोणें तरी पुलिसांक, उजो पालोवपी दळाक, वीज खात्याक म्हायती दिली. ही म्हायती मेळटाच वास्को उजो पालोवपी दळ थंय पावलो. तांणी उजो नियंत्रणांत हाडलो.

ताका लागून व्हड दुर्घटना टळली. ह्या उज्यांत रफीक, दीपक मिश्रा आनी रेश्मा हांच्या दुकांनातले सामान जळ्ळें. जाल्यार समैरुद्दीनाच्या दुकानांत कांय प्रमाणांत उजो लागलो आनी ताका लागून ताच्या दुकानांतले कपडे जळ्ळे. रफीकाचे सगळ्यांत चड लुकसाण जालें. ताणें दोन दिसां आदीं व्हड प्रमाणांत रेडिमेड कपडे विकपाक हाडिल्ले.

ह्या उज्यांत ते सगळे जळ्ळे. सुमार पांच लाख रुपयांचें लुकसाण जालां अशें तांणा सांगलें. ताच्या दुकाना लागीं चप्पल आनी बुटाचे दीपक मिश्रा हांचे दुकान आसा. हांतूत तांचेय सगळे सामान जळ्ळें.

रेश्मा हांच्या दुकानांतले कपडे जळ्ळे. ह्या घडणुकीत सुमार धा ते बारा लाख रुपयांचें लुकसाण जाल्ल्याचो अदमास आसा.

**Panjim**

इमेजीन पणजेच्या नांवान स्मार्ट सिटीचें काम गोंयच्या राजधानीच्या विंगड विंगड वाठरांनी सुरू आसा. मात आयज सकाळीं स्मार्टसिटीच्या कामा मजगतीं भाटल्यान उदकाचीं पायपां फुटून व्हडा प्रमाणांत उदकाची नासाडी जाली. धनलक्ष्मी बिल्डिंग आनी ताचे फाटल्या वाठारांतल्या घरांनी उदक घुसलें. हाका लागून बरेंच लुकसाण जालें. हाका लागून हांगचे थळावे तिडकल्यात.

मजगतीं, नगरसेवकांनी हांगा येवन पळोवणीय केली. सध्या प्रशासनाच्या ह्या सगळ्या कामाक आनी ह्या कामां वरवीं जावपी त्रासांक लागून बरेच त्रास सोंसचे पडटात, अशें लोकांनी सांगलें.

**ईएनटी तपासणी शिबीर - दुर्गाप्रसाद पै**

ताळवळी फोंडेंच्या मातृछायेच्या बाल कल्याण आश्रमांत लायन्स क्लब ऑफ फोंडा वतीन फुकट ईएनटी (कान, नाक आनी गळो) तपासणी शिबिर आयोजीत केल्लें.

ह्या शिबिराचें मार्गदर्शन फोंडेचे वरिश्ठ ईएनटी तज्ञ डॉ. लक्ष्मीकांत नायक हांणी केलें. ह्या वेळार बालव कल्याण आश्रमाच्या सुमार 46 निवासी विद्यार्थ्यांची भलायकी तपासणी केली. उक्तावण सुवाळ्याक बालाकल्याण आश्रमाचे अध्यक्ष आनी लायन्स क्लब फोंडाचे वरिश्ठ वांगडी सागर साकोरडेकार , आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. लक्ष्मीकांत नायक हांणी हाजीर आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक भलायकेची म्हायती दिवन नाक, कान, गळ्याची जतनाय कशी घेवची हाचेर मार्गदर्शन केलें. सागर साकोरडेकार हांणी वळख करून दिली आनी आश्रमांत जावपी वेगवेगळ्या कार्यावळीं विशीं म्हायती दिली.

मनीष धारेश्वरान ह्या सूवाळयाक येवकार दिलो आनी बाळकृष्ण शेल्के हांणी उपकार मानपाचो प्रस्ताव मांडलो. ते उपरांत डॉ मिखेल नायक हांणी विद्यार्थ्यांची भलायकी तपासणी केली आनी डॉ लक्ष्मीकांत नायक हांणी ईएनटी परिक्षा करून विद्यार्थ्यांक फुकट वखदां दिली.

ISL

इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) 2024-25 फुटबॉल सर्तीत जमशेदपूरच्या जेआरडी टाटा स्पोर्ट्स कॉम्प्लेक्सांत काल जाल्ल्या खेळांत जमशेदपूर फुटबॉल क्लबान फुटबॉल क्लब गोंयाक 3-1 असो हारोवन क्रमवारींत दुसरे सुवातेर पावलो. ह्या जैता उपरांत जमशेदपूर 34 गूण मेळोवन गुणतालिकेत दुसरे सुवातेर पावला जाल्यार गोंयचे 33 गूण जाल्यात. जमशेदपूर फुटबॉल क्लब आयतारा बेंगळुरू फुटबॉल क्लब आड खेळतले,जाल्यार फुटबॉल क्लब गोवा बिरेस्तारा ओडिशा फुटबॉल क्लब आड खेळतले.